**बाकिबाब बोरकरांच्या पुण्यतिथी दिसा मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत कार्यावळ**

ता. 4 जुलय 2022

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन पद्‌मश्री सर्गेस्त बाकिबाब बोरकर हांच्या पुण्यतिथी निमतान ता. 8 जुलय 2022 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर पणजे संस्थेच्या सभाघरांत कार्यावळ आयोजीत केल्या. प्रो. अनिल सामंत हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे आसतले. तशेंच बाकिबाबांची धुव श्रीमती मुक्ता आगशिकर आनी श्रीमती भारती हेबळे हांची कार्यावळीक उपस्थिती आसतली.

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत बाकिबाबांच्या जीणेचेर प्रदर्शन मांडपात येतले. तशेंच कार्यावळीच्या दुसऱ्या सत्रांत मनसा क्रिएशन, पणजी हांच्या जोडपालवान बाकिबाबांच्या कवितांचेर आदारीत स्वर अनुराग ही संगीताची कार्यावळ जातली. विष्णू शिरोडकर ( कि-बोर्ड), धनराज मडकईकर (हार्मोनियम), बिंदीया वस्त (गायन), गौतमी हेदे बांबोळकर (गायन), राजेश मडगांवकर (गायन) हे संगीताची कार्यावळ सादर करतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/443

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji